Pm army 70

लश्कर दिसा निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज भारतीय लश्कराच्या धैराक आनी खर वचनबद्धतेक मानवंदना दिला . देशाचे सैनिक निस्वार्थी सेवेचें प्रतीक म्हणून खंबीरपणान उबे रावतात, राष्ट्राची राखण करतात, कांय वेळार चड आव्हानात्मक परिस्थितींकी तोंड दितात अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी आपल्या संदेशांत म्हणलां. प्रधानमंत्र्यांनी तांची कर्तव्याची भावना देशभरांत आत्मविस्वास आनी उपकाराची भावना निर्माण करता अशे सांगलें . तांणी देशाच्या जवानांनी कठीण परिस्थितींत लेगीत आपली तांक सिद्ध केल्या अशे मुखार नोंद केले

Nadda 98

केंद्रीय भलायकी मंत्री जगत प्रकाश नड्डा हांणी आयज भारताची आयुश आनी वनस्पती निर्यात स टक्क्यां परस चड वाडली आनी 2023-24 वर्सा 64.9 कोटी डॉलर आशिल्ली ती 2024-25 वर्सा 68.8 कोटी डॉलर परस चड जाल्या अशी म्हायती दिली . आयुष निर्यात प्रमोशन काउन्सिलाची थापणूक जाल्ल्यान नवी गती मेळ्ळ्या, संवसारीक पांवड्यार पावणी सशक्त जाल्या आनी भारताच्या पारंपारीक वखदां आनी वनस्पती उत्पादनांची आंतरराष्ट्रीय मागणी वाडल्या अशें प्रसार माध्यमाक मंत्री नड्डा हांणी सांगलें. भारताच्या पारंपारीक वैजकी क्षेत्रा खातीर ह्या कामगिरीक उर्बा मेळ्ळ्या अशें म्हणत मंत्री नड्डा हांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारताचें दायज संवसारभर नव्या बाजारांत पावपाक लागलां अशें उक्तायलें.

AMIT SHAH 78

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी आयज गुजरातांतल्या अहमदाबाद शारांत गुजराती भाशेंत उजवाडाक आयिल्ल्या आदिशंकराचार्यजीच्या पुस्तकांचो संग्रह जाहीर केलो. पालडीच्या टागोर हॉलांत जाल्ल्या आदिशंकराचार्य समाग्र ग्रंथावलीच्या मुक्ती सुवाळ्याक ते मार्गदर्शन करताले. ह्या संग्रहाचें संपादन आनी प्रकाशन हें गौतम पटेलाच्या जिवितांतलें सगळ्यांत व्हडलें काम अशें तांणी म्हणलें. मंत्री शाहा हाणी स्वामी अखंडानंदजीचोय उगडास करून राज्याचें सामुहीक पात्र उबारपाक आपलें योगदान म्हत्वाचें थारलां अशें सांगलें.BYTE गुजराती भाशेंत अणकारीत केल्लें विवेक चूडामणी हें पुस्तक एक फावट वाचचें अशेंय तानी तरणाट्यांक आवाहन केलें.

103 NITI

नीती आयोगान आयज येवजणेच्या अभिसरणांतल्यान सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देगांक एमएसएमई क्षेत्रांत कार्यक्षमताय मेळोवप ह्या नांवान एक अहवाल जाहीर

केला. निती आयोगाचे मुखेल कार्यकारी अधिकारी  बी व्ही आर सुब्रह्मण्यम हांणी नवी दिल्लींत ह्या अहवालाची सुरवात केली. देशांतल्या  एमएसएमईक  सरकारी आदाराची परिणामकारकता घटमूट करपा खातीर रणनिती रस्तो नकासो अहवालांत मांडला.

REPUBLIC 143

युरोपीय काउन्सिलाचे अध्यक्ष आंतोनियो लुईस सांतोस दा कोस्टा आनी युरोपीय आयोगाची अध्यक्ष उर्सुला फॉन डर लेयेन 26 जानेवारीक कार्तव्यापथ हांगा जावपी 77व्या प्रजासत्ताक दीस उत्सवांत मुखेल सोयरे आसतले. IMD 75

IMD

भारतीय हवामान खात्यान आयज दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढात   दाट धुक्याची परिस्थिती आनी रेड अलर्ट जारी केला . मजगतीं, उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंडात मेरेन  अशीच परिस्थिती उप्रासताली आनी  ORANGE अलर्ट  जारी केल्या.

SPORTS

बायलांच्या प्रिमियर लीग क्रिकेटांत आयज नवी मुंबयच्या डीवाय पाटील स्पोर्ट्स ॲकॅडमींत मुंबय इंडियन्स आनी यूपी वॉरियर्स हांचे मदीं मॅच  सांजवेळा 7.30 वरांचेर सुरू जातली.